10th October 2026
8.40am

मुखेल खबरो

- किशोरवयीन चलयांचे भलायकी, पोशण आनी समग्र उदरगतीचेर लक्ष दिवपाचो उलो, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी मारला. बायलां आनी भुरगी विकास मंत्रालयाच्या दोन दिसांच्या, राष्ट्रीय विभागीय शिखर सभेत प्रधानमंत्री उलयताले.
- दिल्ली पुलिसांनी राष्ट्रीय राजधानींतल्या जंतर मंतराचेर, CJPन केल्ल्या प्रस्तावीत निशेधाक, परवानगी नाकारल्या. दिल्लीत सुरक्षा वेवस्था खर केल्या.
- भारतांत खंयच्याच क्षेत्रांत मक्तेदारी करपाक मेळना, अशें संचारण मंत्री ज्योतिरादित्य सिंधिया हांणी सांगलां.
- दुसरे टी-20 मॅचींत, वॅस्ट इंडीज पंगडान येजमान भारताक 6 विकेटींनी हारायलो आनी पांच मॅचींच्या ह्या माळेंत, बरोबरी साध्य केली.

PM Women & Child -

किशोरवयीन चलयांचे भलायकी, पोशण आनी एकंदर उदरगतीचेर चड लक्ष दिवपाचो उलो, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी मारला. काल नवी दिल्लींत जाल्ल्या, बायलां आनी भुरगी विकास विशींच्या दोन दिसांच्या, राष्ट्रीय विभागीय शिखर सभेत समारोप अधिवेशनाचे अध्यक्षपद सांबाळटना, प्रधानमंत्री उलयताले. प्रधानमंत्री मोदी हांणी जन भागीदारीचेर भर दिलो आनी आंगनवाडी केंद्रां, समुदाय सहभागाचे केंद्र म्हणून, विकसीत करपाचो उलो मारलो. खाशेल्या प्रसंगाचेर, आंगनवाडी केंद्रां लागसार रावपी कुटुंबांक भुरग्यां खातीर पोशक अन्न, खेळणीं आनी हेर वस्तू वांटून दिवन, तांका योगदान दिवपाक प्रोत्साहन दिवचें, अशेंय प्रधानमंत्र्यांनी उलयतना सांगलें.

Nupur CJP Protest -

ह्या आदी जाल्ल्या मार्गदर्शक तत्वांचें उल्लंघन आनी भौशीक सुरक्षेचो हुस्को उक्तावन, दिल्ली पुलिसांनी आयज राष्ट्रीय राजधानींतल्या जंतर मंतराचेर CJPन केल्ल्या प्रस्तावीत निशेधाक परवानगी नाकारल्या. काल नवी दिल्लींत, प्रसार माध्यमांक संबोधीत करतना दिल्ली पुलीस जोड आयुक्त नुपूर प्रसाद हांणी सांगलें, कि जंतर मंतराचेर निशेध वा हेर कार्यावळी करपाची परवानगी मागपी अर्ज, उण्यांत

उणे 10 दीस आदीं सादर करचे पडटले. CJP क हाचे पयलीं ह्या थळार निशेध करपाची परवानगी दिल्ली, पूण थारायिल्ली मार्गदर्शक तत्वांक पाळो दिवंक नाशिल्ल्याचें प्रसाद हांणी नदरेक हाडलें.

भारतीय नागरीक सुरक्षा संहितेच्या कलम 163 खाला, प्रतिबंधात्मक आदेश सध्या ह्या वाठारांत लागू आसात, आनी कायद्याचें उल्लंघन करप्याचेर दिल्ली पुलिस योग्य कायदेशीर कारवाय करतली अशी शिटकावणी नुपूर प्रसाद हांणी दिली. मजगतीं, पुराय राष्ट्रीय राजधानींत सुरक्षा वेवस्था घटमूट केल्या.

SCINDIA -

भारतांत खंयच्याच क्षेत्रांत मक्तेदारी करपाक मेळना, अशें संचारण मंत्री ज्योतिरादित्य सिंधिया हांणी सांगलां. तशेंच भारतांत काम करपाक स्टार-लिंकाच्या परवान्या विशीं, सिंधिया हाणी काँग्रेसीचेर टिका केली. काल नवी दिल्लींत जाल्ल्या, इंडिया मोबायल काँग्रेस 2026च्या धाव्या आवृत्तींत उलयतना, मंत्री सिंधिया हांणी सांगलें, कि तीन कंपनींनी - स्टारलिंक, जियो सॅटेलाइट कम्युनिकेशन्स आनी युटेल-सॅट वनवेब हांका उपग्रह संचारण परवाने मेळयल्यात. उपग्रह संचारण संचालकांक वैयक्तीक रितीन थारायिल्ले सुरक्षा नेम पुराय केल्या उपरांतच, सेवा सुरू करपाक मेळटली, हांचेर मंत्री ज्योतिरादित्य सिंधिया हांणी भर दिलो.

Rajnath Singh Airforce –

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग आयज राजस्थानांतल्या वायुसेना स्टेशन जोधपूर हांगा जावपी, बहुराष्ट्रीय हवाई सराव तरंग शक्ति 2026च्या मुखेल कार्यावळींक हाजीर रावपाचे आसात. 26 सप्टेंबर ते 12 ऑक्टोबर मेरेन चलपी ह्या सरावाचो हेत सहभागी हवाई दळां मदीं कार्यकारी सहकार, परस्पर संचालन क्षमता आनी समजूत घटमूट करपाचो आसा. सात परकी इश्टागत देश ऑस्ट्रेलिया, अमेरिकेचीं संयुक्त संस्थानां, संयुक्त अरब अमीरात, फ्रांस, जर्मनी, श्रीलंका आनी बांगलादेश भारतीय वायुसेने वांगडा वांटो घेतात. हेर जायते देश, निरिक्षक म्हणून हातूंत वांटो घेतात.

ECI Form -

वेंचणूक आयोगान वैयक्तीक मतदारांनी दाखल केल्ल्या, फॉर्म-7 अर्जांचेर मर्यादा घाल्या, दावे आनी हरकती काळांत, चडांत चड 10 अर्ज आनी वेंचणूक नोंदी सेगीत अद्ययावत करतना, म्हयन्याक पांच अर्ज करपाक मेळटात. वैयक्तीक मतदारांनी फॉर्म-7 अर्ज

दाखल करपाचेर वाजवी मर्यादा थारावपा संबंदी, आयोगान राज्य आनी संघराज्यांच्या मुखेल वेंचणूक अधिकाऱ्यांक बरयलां. वैयक्तिक मतदारांक मोठ्या संख्येन हरकती दाखल करपाच्या प्रवृत्तीक, आळो घालपाच्या उद्देशान, ऑनलाइन आणि ऑफलाइन अशा दोनूय पद्धतींनी, हे अर्ज सादर करपाचेर मर्यादा घालपाचो निर्णय घेतला.

सेवा संकल्प अभियान कामगार संहिता

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी भौशिक लोकसेवेंतली 25 वर्सां पुराय करतात. हो प्रवास जनसेवेतल्यान राष्ट्रसेवा, या मंत्रान आणि अविरत समर्पणाच्या भावनेन घडला. सेवा आणि सुशासनाच्या याच दृष्टिकोनातल्यान प्रेरित जावन, सरकार २०४७ मरेन विकसित भारत हे उद्दिष्ट साध्य करपाक अथक यत्न करता. सर्वसमावेशक विकास आणि सामाजिक सक्षमीकरणाच्या माध्यमातल्यान, ही निष्ठा लोकांचे जीवन बदलता. आयज आमच्या खाशेल्या माळेंत आमी 'सेमीकंडक्टर मोहीम २०२१' वरवीं ही नदर कशी कृतींत रुपांतरीत जाली, हाची एक देख सादर करतात. संवसारीक चिप उणावाक लागून 2021 वर्सा, जेन्ना कार कारखाने आनी इलॅक्ट्रॉनिक्स उत्पादन बंद जाले, तेन्ना भारत देश आपल्या नियंत्रणांतच नाशिल्ल्या, पुरवण साखळींचेर, कसो पुरायपणान निंबून आसा, तें स्पष्ट जालें. २१ डिसेंबर २०२१ दिसा, ७६ हजार कोटी रुपया खर्च करून अधिसूचित केल्ल्या 'सेमीकॉन इंडिया कार्यावळीचो' हेत फॅब्रिकेशन, पॅकेजिंग आणि डिझाइन हांचो आस्पाव आशिल्लो पुराय संच देशातच तयार करप, असो आशिल्लो. आनी तो चलोवपा खातीर, इंडिया सेमीकंडक्टर मिशनाची स्थापणूक जाली. ते उपरांत, सुमार १ पूज्य ६ लाख कोटी रुपया मोलाच्या, धा प्रकल्पांक मान्यताय मेळळ्या, जातूंत दोन फॅब्रिकेशन युनिट आनी आठ पॅकेजिंग युनिटांचो आस्पाव आसा. आनी तातूंतल्या चार प्रकल्पांचेर प्रायोगिक तत्वार, उत्पादन पयलींच सुरू आसा. अशा तरेन एक दुबळो दुवो, उद्देगीक येवजणेंत रुपांतरीत जालो.

PM Skills -

तंत्रगिन्यानाच्या नेटान जावपी उदरगती मदीं, तरणाट्यांनी आपली कुशळटाय सेगीत वाडोवपाची आनी उदयाक येवपी तंत्रगिन्याना कडेन जुळोवन घेवपाची गरज आसा, हाचेर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी भर दिला. काल नवी दिल्लींतल्या आपल्या निवासस्थानार, वर्ल्ड-स्किल्स शांघाय 2026 सर्तीत वांटो घेवपी टीम इंडियाच्या वांगड्या कडेन संवाद सादतना तांणी ही गजाल सांगली. जागतीक मळार भारताचें

प्रतिनिधित्व केल्ल्या खातीर, भाग घेवप्यांक परबीं दितना प्रधानमंत्री मोदी हांणी आंतरराष्ट्रीय बाजारपेठेच्या गरजां प्रमाण, कुशळटाय विकसीत करपाचो उलो मारलो. भारताक कुशळ मनीस संसाधनांचें जागतीक केंद्र म्हूण स्थापन करपा खातीर तरणाटे, सरकार आनी प्रशिक्षण संस्थांनी समन्वयात्मक यत्न करपाची गरज आसा, हाचेर प्रधानमंत्र्यान भर दिलो.

By Elections WB -

अस्तंत बंगाल आनी आसामांतल्या मुखेल पोटवेंचणुकांनी, सत्ताधारी भारतीय जनता पक्षान जैत मेळयलां, जाल्यार सत्ताधारी तमिलागा वेत्री कझागम (टीव्हीके) पक्षान तमिळनाडूंतल्या, दोन विधानसभा पोटवेंचणुकांनी जैत मेळयलां. पुडुचेरींत सत्ताधारी ऑल इंडिया एन.आर. कॉंग्रेसीन, थट्टांच-वडी विधानसभा सुवात तिगोवन दवरल्या. मजगतीं, आसामांत नागांव लोकसभा पोटवेंचणुकेंत, भाजपाचो उमेदवार देवशीश शर्मा हाणें आपल्या लागींच्या प्रतिस्पर्धी ऑल इंडिया युनायटेड डेमोक्रेटिक फ्रंटाचे मुखेली बद-रुद्दीन अजमलाक, एक लाख 42 हजारां वयर मतांनी हारयलो.

Cricket –

दुसरे टी-20 मॅचींत, वॅस्ट इंडीज पंगडान येजमान भारताक 6 विकेटींनी हारायलो आनी पांच मॅचींच्या ह्या माळेंत 1 आड 1 अशी बरोबरी साध्य केली. रांचीच्या जे.एस.सी.ए आंतरराष्ट्रीय स्टेडियमाचेर जाल्ले मॅचींत, भारतान जैता खातीर दिल्ली 250 धांवड्यांची मोख, वॅस्ट विंडिजान फक्त 18 पूज्य 3 ओव्हरींनी 4 विकेटी व्हगडावन मेळयली. भारत आनी वेस्ट इंडीज हांचे मदीं तिसरी, टी-20 आंतरराष्ट्रीय match फाल्यां इंदूरांत जातली. सांजे 7 वरांचेर ही मॅच सुरू जावपाची आसा.

हवामान -

भारतीय हवामान खात्यान आयज केरळम, माहे, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकल वाठारांत घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. आयएमडीच्या म्हणण्या प्रमाण, दर्यादेगेवेलो कर्नाटक, कोंकण आनी गोंयांत आयज उश्ण आनी दमट हवामान आसूंक शकता.

मुखेल खबरो

- किशोरवयीन चलयांचे भलायकी, पोशण आनी समग्र उदरगतीचेर लक्ष दिवपाचो उलो, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी मारला. बायलां आनी भुरगी विकास मंत्रालयाच्या दोन दिसांच्या, राष्ट्रीय विभागीय शिखर सभेत प्रधानमंत्री उलयताले.
- दिल्ली पुलिसांनी राष्ट्रीय राजधानींतल्या जंतर मंतराचेर, CJPन केल्ल्या प्रस्तावीत निशेधाक, परवानगी नाकारल्या. दिल्लीत सुरक्षा वेवस्था खर केल्या.
- भारतांत खंयच्याच क्षेत्रांत मक्तेदारी करपाक मेळना, अशें संचारण मंत्री ज्योतिरादित्य सिंधिया हांणी सांगलां.
- दुसरे टी-20 मॅचींत, वॅस्ट इंडीज पंगडान येजमान भारताक 6 विकेटींनी हारायलो आनी पांच मॅचींच्या ह्या माळेंत, बरोबरी साध्य केली.

------------------------